**शेल्डे उपकेंद्रावयल्यान वीज पुरवण परतून सुरळीत चालू**

ता. 10 मे 2021

वीज खात्याचे अभियंते आनी कर्मचाऱ्यांनी शेल्डे उपकेंद्राच्या वीज यंत्रणेत ८ मे दिसा रातीकडेन जाल्ल्या बिघाडाची झुजापांवड्यार दुरूस्ती करून वीज पुरवण परतून सुरळीत केली. वीज अभियंत्यांनी दुरूस्तीचे काम झुजापांवड्यार पुर्ण करून दुसऱ्या दिसा सकाळी ८ वरांमेरेन वीज पुरवण परती चालू केली.

220/33 केव्ही शेल्डे उपकेंद्राचेर अकस्मात जाल्ल्या बिघाडाक लागून वाडे, सांगे, शेळपे, नेत्रावळी, आके, फातोर्डा आनी हेर सरभोवतणच्या वाठारांत रातीकडेन वीज पुरवण खंडीत जाल्ली.

मजगती, वीज खात्यान शेल्डे उपकेंदाखातीर राज्याभायल्यान एक 50 एमव्हीए वीज ट्रान्सफॉर्मर भाड्यान हाडिल्लो आसून ताची रोखडीच चाचणी करून तो चालू दवरतले.

म्हा /सप/ ऑप/ विगां/ 2021/469

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji